नमस्कार आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date :05/09 /2025 7.20 p m

## प्रादेशिक खबरो

### मुखेल खबरो

शिक्षकांनी पुस्तकी ज्ञाना वांगडाच विद्यार्थ्यांची सर्वांगीण उदरगत करपी मुल्यवर्धक शिक्षण विदयार्थ्यांक दिवप महत्वाचे आसा. विकसित भारत स्वयंपुर्ण गोंय कररतना एक बरी पिढी घडोवपात शिक्षकांची महत्वाची भृमिका आसा, अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. ते शिक्षण खात्यावतीन आयोजित ६४ व्या शिक्षक दिसाच्या कार्यावळीत मुख्यमंत्री वशिश्ट गुरु पुरस्कार भेटवण सुवाळ्यात उलयताले. ही कार्यावळ पणजे कला अकादमीच्या मास्टर दिनानाथ मंगेशकार सभाघरात जाली. शिक्षकांनी पारंपारीक शिक्षण पध्दतीन शिकोवपासयत नाविन्य आनी तंत्रगिन्याचो ध्यास घेंवन, तशेच शिस्त, अभ्यासाची गोडी ह्या तत्वांक महत्व दिवंन विद्यार्थ्यांक शिकोवचे अशे मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार म्हणला.

गोंयच्या कांय सराकरी शाळींनी एक शिक्षकी शाळा आसाता, हो प्रस्न ह्य वर्सा पयली सरकार सुटावो करतले. अशा शाळानी अतिरीक्त शिक्षकाची नेमणुक जातली अशें ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान म्हळा. जाल्यार ९० टक्के शाळांनी बरी साधन सुविदा सरकारान उपलब्ध करुन दिल्या, शालांतले कमप्युटर लॅब, शिक्षावृत्ती येवजण, कोडींग आनी रोबोटीक्स विशयाचे शिक्षण हे विंशी गोंय सरकारा शिक्षण मळार बरी कामगिरी केला. सायबर सेक्युरीटीच्य नदरेतल्यान ह्यानफुडें विद्यार्थ्यांक सायबर सेक्युरीटी हो विशय लेगीत शाळांनी शिकयतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सांवत हांणी दिल्या.

गांवगिऱ्या वाठारातल्या विद्यार्थ्याखातीर शिक्षक हो तांचो रोल मॉडेल आसता, ताका लागुन विद्यार्थ्यांक शिक्षणातल्यान घडवपापासत, तांका करीयर गायडंन्स करपाची महत्वाची भुमिका शिक्षक वठोंवक शकता अशें शिक्षण खात्याचे सचिव प्रसाद लोलयेकार हांणी म्हणला. देशातल्या हेर राज्याच्या तुळेंत गोंय शिक्षण खात्यान राश्ट्रीय शिक्षण धोरण खरसाणीन चालीक लावपाक गोंय राज्य मुखार आसा अशे तांणी म्हळा.

गोंयांत 140 सरकारी जाल्यार 700 सरकारी अनुदानित शाळा आसा. मात कांय पालक आपल्या भुरग्यांक सराकरी शाळापरस सरकारी अनुदानित शाळांनी धाडपाक महत्व दितात अशे दिसुन आयला. गोंयातल्यो सरकारी शाळा, थंय आशिल्लयो सुविधा, तशचं शिक्षकाचो दर्जो उंचेल्या पावंड्याचो आसा ताका लागुन पालकांनी सरकारी शाळांनी आपल्या भुरग्यांक घालचे अशे आवाहन मुखेलमंत्र दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला. कांय पालकांक आपल्या भुरग्यांचे शिक्षणाचे माध्यम इंग्लिश जाय आसता,ताका लागुन सरकारी अनुदानित शाळेत चड एडमिशनां जातात अशे कारम जांवक शकता अशें म्हणटना, आपल्या मातृभाशेतल्यान मुलावे शिक्षण जावप महत्वाचे आसा , अशे अधोरेखित केला. गोंयच्या सराकरी शाळांनी मराठी आनी कोंकमी सयत इगंलिश हो लेगीत एक विशय तीतक्याच प्रक्भावीपणान शिकयताता अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

आयज ६४ व्या शिक्षक दिसानिमतान गोंय सराकरान राज्यातल्या उत्कृश्ठ १० शिक्षकांचो भौमान केलो. मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी आयज ह्या १० शिक्षकांक मुखेलमंत्री वशिश्ठ गुरु पुरस्कार दिवपाची कार्यावळ आयज पणजे कला अकादमीच्या मास्टर दिनानाथ मंगेशकार सभाघरात जाली. प्राथमिक शाळा शिक्षक पुरस्कार विभागात विठ्ठलापुर साखळेच्या श्री विठ्ठल रखुमाई सरकारी शाळेच्या छाया बोकाडे हांका उत्तरगोंयातलो बरी शिक्षिका म्हण जाल्यार दक्षीण गोंयांत गावठणे दारबांदोडेच्या सरकारी शाळेचे शिक्षक कमलाकार देसाय हांका उत्कृस्ठ शिक्षक हो पुरस्कार फावो जाला.

Secondary school विभागात उत्तर गोयां सांवन सर्वण बिचोलीच्या केशव सेवा साधना नारायण झांट्ये स्कुल फोर स्पेशल चिल्ड्रन ह्या शाळेंची स्पेशल एड्युकेटर मंजिरी जोग हांका उत्कृश्ठ शिक्षिका पुरस्कार फावो जाला, जाल्यार viscount of pernem high school चे शिक्षक राजमोहन शेट्ये हांका पुरस्कार फावो जाला. ह्या विभागावरवी दक्षीण गोंयात फोण्याचे p.m shri camilo Pereira memorial ह्या सरकारी शाळेचे शिक्षक कालिदास सार्ताडेकार हांका उत्श्ठ शिक्षक तशेंच मडकयच्या स्मीत आनंदीबाई महानंदु नाईक हायस्कुलची शिक्षिका ममता पाटील हांका उत्कृश्ठ शिक्षीका पुरस्कार फावो जाला.

हाय -स्कुल विभागात उत्तर गोंयातल्यान म्हापसा ज्ञानप्रसारक विद्यालयाचे मुख्यध्यापक गुरुदास पालकार हांका उत्कृश्ठ शिक्षक तशेंच दक्षींण गोंयांसांवन

नावेलीच्या रोसरी हायस्कुलाची मुख्यध्यापिका अरोरा डिसौझा हांका पुरस्कार उत्कृश्ठ शिक्षीका पुरस्कार फावो जाला.

जाल्यार हायर सेकेंण्डरी विभागात हेडलेण्ड सडाच्या दिपविहार हायर सेकेण्डरी स्कुलाचे शिक्षक सुनील शेट, vvm's ,(R.M.S. HIGHER SECONDAY SCHOOL) ची मुख्यध्यापिका सिंथिया मारीया बोर्जीस इएब्रांचीस हांका पुरस्कार फावो जाला.

इतलेमजगती आयज कुजिरा बांबोळेच्या डॉ के. बी हेडगेवार हायस्कुलाचे मुख्यध्यापक विलास सतरकार हांका रास्ट्रपती द्रोपदी मुर्मू हांचे हस्तुकी दिल्ली विग्यान भवन हांगा शिक्षक दिसाच्य फांटभुयेंर जालल्या शिक्षक दिसाच्या कार्यावळीत राश्ट्रीय शिक्षक पुरस्कार फावो जाला.

गोंयतले काजुची चव पर्यटकांक तशेंच गोंयच्या नागरीकांक चाखपाक मेळची म्हण आयज गोंय रान म्हामंडळान रान खात्याच्य जोडपालवान गोवन सिलवान केज्यु ह्या ब्रेण्डांचे विक्री केंद्र पणजे कांपला महावीर गार्डनाच्या वाठारात सुरु केला. ह्या विक्री केंद्राचे उक्तावण आयज गोंय रान म्हामंडळाची अध्यक्षा देविया राणे हांच्या हस्तुकी जाले. गोवन सिलवान केज्यु हो गोंय सरकाराचो काजुचो स्वतचो पयलो ब्रेण्ड जांवन आसा अशी म्हायती देविया राणे हिणे दिल्या. अश्यो आनीक आउटलेटी गोंयच्य पर्यटन थळांचेर , तशेंच भौशिक थलांचेर सुरु केला. हे शिवाय नामनेच्य दुकांनानी लेगीत ही काजु पाकीटा उपलब्ध आसात अशी म्हायती देवियान दिल्या. गोंयच्या काणकोण, केपे, मोले, तशेंच फोंण्या ह्या गावगिर्या वाठारातल्य काजुची पिकावळघेवपी काजुकारांकडल्यान थेट काजु विकत घेवन , ताचेंर प्रक्रिया करुन गोंयचो काजु बी विकपाच्य हेतान गोवन सिलवान केज्यु सुरु केला अशी म्हायती देविया राणे हीणए ह्यावेळार दिला.अंदु अवकाळी पावस पडील्यान गोंयांत फकत 50 टक्के काजु पिकावळ जाल्या अशी म्हायती तीणे दिल्या. जाल्यार geographival indicatio म्हणल्यारुच GI tag मेळल्या उपरांत गोंयच्या काजुची निर्यात करुन बरो महसुल राज्य सराकराक मेळपाक शकता असो विस्वास देविया राणे हीणे व्यक्त केला.

गोंय आदिवासी संशोधन संस्थेन गोंयच्या स्वातंत्र्य चळवळीत भाग घेतिल्ल्या आनी जांच्या नावाची आजून मेरेन वळख वा नोंद जावंक ना, अशा अनुसूचित जमातीच्या (एसटी) व्यक्तींची नावां मागयल्यात. फर्मागुडी फोंडे हांगा बांदपात येवपी आदिवासी स्वातंत्र्य सैनिक वस्तुसंग्रहालयांत आदिवासी स्वातंत्र्य सैनिकांची म्हायती प्रदर्शीत

करपात येतली. संस्थेन  20 ऑक्टोबर 2025 मेरेन गोंय राज्य अनुसूचित जमाती वित्त आनी विकास महामंडळाचे कार्यालय, दुसरो माळो,  दयानंद स्मृती इमारत,स्वामी विवेकानंद रोड, पणजी गोंय हांगा  पडताळणी खातीर तपशील धाडपाचे आवाहन केला.

आदिवासी संशोधन संस्थेन आदिवासींचो वारसो सांबाळपा खातीर आनी फुडल्या पिळग्यांग आदिवासी स्वातंत्र्य सैनिकांच्या बलिदानाची म्हायती कळची म्हूण हो मोलादिक वावर हातांत घेतला.

३० व्या राष्ट्रीय १७ वरसां पिराये खालच्या सब ज्युनीयर चले आनी चलयांच्या टेनीस बोल क्रिकेट सर्ती निमतान गोंय टेनीस बोल क्रिकेट संघटनेच्या वतीन गोंयचो पंगड वेंचून काडपा खातीर ६ सप्टेंबराक निवड चांचणी घेवपाचें थारायलां.३० वी राष्ट्रीय सब ज्युनीयर क्रिकेट सर्त १४ तें १७ ओक्टोबर मजगतीं राजस्थानांतल्या दौसा वाठारांत जातली.गोंयच्या चले आनी चलयांचो पंगड वेंचून काडपा खातीर निवड चाचणी ६ स्प्टेंबराक दनपारच्या तीन वरांचेर माशेलांतल्या शारदा ईंग्लीश हायस्कुलाच्या खेळा मळार जातली.निवड चाचणी क येतना खेळगड्यानी आपलो जल्मदाखलो,आधार कार्ड,आनी खेळपाच्या साहित्यासयत दनपारां पावणे तीन वरांचेर मैदानाचेर हाजीर रावचें अशें गोंय टेनीस बोल क्रिकेट संघटणेन कळीत केलां.

राज्यांत या म्हयन्यांत म्हळयार सप्टेंबरांत सरासरी परस चड पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. चालू म्हयन्यांत आता मेरेन राज्यांतल्या चडश्या वाठारांनी सरासरी परस चड पावस पडला. जाल्यार कांय वाठारांनी सरासरी इतल्या पावसाची नोंद आसा. हवामान खात्यान हे विशींचो अदमास जारी केला. सप्टेंबरांत राज्यांतल चडांत चड तापमान सरासरी इतलें, जाल्यार उण्यात उणे तापमान सरासरी परस चड उरपाची शक्यताय आसा.

१ जून ते १ सप्टेंबर ह्या काळांत राज्यांत सरासरी ११३.७८ इंच पावस पडला. फाटल्या वर्सा ह्याच काळांत सरासरी १५५ इंच पावस पडिल्लो. अंदू राज्यांत पावस २५ मेक पावलो. हवामान खातें १ जून ते ३० सप्टेंबर हो पावस घेतात. ह्या काळांत राज्यांत सरासरी ११३ इंच पावस पडला. अंदू ऑगस्टाच्या निमाणें मेरेन सरासरी हंगामी पावस पुराय जाला.

हवामान खात्यान दिल्ल्यान म्हायती प्रमाण फुडले दोन दिसात गोंय राज्यातल्या चडशा सुवातींनी हलको ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय आसा तशेच वारे वराक 45 ते 55 किलो

मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 65 किलोमीटर इतलो वाडू येता देखून नुसते मारानी हे काळात खोल दऱ्यांत वचचे न्ही अशे वेधशाळेन कळीत केला . मजगती फाटल्या २४ वरात पेर्नेम-14.8 धारबांदोरा-9.3, पोंडा -9, दाबोलीम-8.2, एला (पोरनें गोंय)-7, मापुसा 6.4, वालपोई-5.5, पणजी-3.6, सांकेलीम-3.6, मार्गाओ-3.1, मोर्मुगांव-2.6 मिलीमीटर पावसाची नोंद जाल्या. पणजेंत चडांत चड तापमान३१.०० अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान२5 अंश सेल्सियस नोंद जालां.फुडले स दीस गोंयांतलें चडांत चड तापमान ३५अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणें तापमान २5 अंश सेल्सियस मेरेन आसपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या

२०

गोंय विद्यापिठान आयोजीत केल्ल्या बास्केटबॉल सर्तीत बायलांच्या गटात डॉन बॉस्को कॉलेज, पणजे जाल्यार दादल्यांच्या गटात सेंट झेवियर्स कॉलेज मापुसा हाणी वस्ताद्पण जिंखले